२२-१२-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**जिल्हो पंचायत मतमेजणी 150**

जिल्हो पंंचायत वेंंचणुके खातीर विक्रमी म्हंळ्यार 70.81 टक्के मतदान जाल्यान निकालाविशी सगळ्याक उमळशीक आसा. फाल्या 14 सुवातेर सकाळी 8 वराचेर मतमेजणीक सुरवात जातली. बार्देश, साश्ट आनी फोंडा म्हालात दरेकी दोन सुवातांचेर मतमेजणी जातली. दनपार मेरेन चित्र स्पश्ट जातलें, अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयोगाच्या गोपानी दिली. मतमेजणी जाल्या उपरांत अध्यक्ष तशेच उपाध्यक्ष पद निवडीच्यो हालचाली सुरू जातल्यो. दादल्यांपरस बायलांच्या मतदानाचे प्रमाण चड आसा. उत्तर तशेच दक्षीण गोंयांत हे खेपो दादल्यां परस बायलां मतदारांचो आकडो चड आशिल्लो. मतदाना उपरांत सगळ्यो मतपेट्यो म्हालाच्या सुवातेर खर पुलीस बंदोबस्तात स्ट्रॉंग रूमान दवरल्या.पेडणे मल्टीपर्पज खेळा स्टेडियम, बार्देश - पेडे खेळा संकूल, बॉक्सींग सभाघर आनी बॅडमिंटन सभाघर, ताळगाव : डॉ. श्यामाप्रमसाद मुखर्जी स्टेडियम,दिवचल नारायण झाट्ये सभाघर, वाळपय : कदंबा बस स्टॅंड हॉल, फर्मागुडी सरकारी आयटीआय सभाघर, मडगाव माथानी साल्ढाणा संकूल (उत्तरेची बाजू) आनी (दक्षिणेची बाजू), धारबांदोडा सरकारी

कार्यालय संकूल, सांगे सरकारी खेळा संकूल, केपे - बोरीमळ सरकारी खेळा संकूल, काणकोण सरकारी उच्च माध्यमिक विद्यालय हांगा मतमेजणी जातली.

राष्ट्रीय गणित दिस - ६०

आयज राष्ट्रीय गणित दिस मनयता. भारतातले सगळ्यात प्रभावी आनी संवसारीक पावंड्यार मान्यतायप्राप्त गणित तज्ञांपेकी एक आशिल्ल्या श्रीनिवास रामानुजन हांच्या जयंतीनिमतान हो दिस मनयतात.भारत सरकारने डिसेंबर २०११त औपचारिकपणान हो दिस सुरू केलो आनी रामानुजन हांच्या गणितातल्या असाधारण योगदानाची दखल घेताना २२ डिसेंबर हो दिस राष्ट्रीय गणित दिस म्हूण घोषित केलो. श्रीनिवास रामानुजन हांचे गणितातले कार्य आयजूंय आर्विल्ल्या गणिताक प्रभावित करता.

लोकोत्सव अर्ज - १७०

पणजे कला अकादमी वाठारात जावपी लोकोत्सवात देशभरातले

600 परस चड कलाकार वाटो घेतले.

लोकोत्सवादरम्यान गोंयांतल्या हस्तकारागिरांक वाटो घेवपाक इत्सुक आशिल्लयान कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पट्टो पणजी हांगा 23 & 24 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 10 ते सांजेचे 5 वरामेरेन अर्ज मेळटले. हे अर्ज 29

डिसेंबर मेरेन सांजेच्या 5छ30 वरामेरेन भरुन दिवप गरजेचे आसतले. हे अर्ज फॉर्म फकत गोंयच्या हस्तकला कारागिरां खातीर, पॅक स्टॉल /सेविंग फूड विक्रेत्या स्टॉल खातीर आसात. लोकोत्सव महोत्सव 2026 खातीर आपले स्टॉल घालपा खातीर हस्तकला कारागीर कार्ड/परवानो आशिल्ल्या आनी हस्तकला, हातमाग, पारंपारीक दागिने आदी उत्पादन करपी इत्सूक गोंयच्या हस्तकला व्यक्तीं कडल्यान खात्यान थारायिल्ल्या फॉर्मांत अर्ज आपयतात.

वैध कारागीर कार्डा आड दरेका विक्रेत्याक फकत एक फॉर्म जारी करतले . स्टॉल वाटप करतना तेंच फकत डेबिट कार्ड वा यूपीआय वरवीं फारीक करचें पडटले.अर्ज फॉर्माचो शुल्क @ 10/- रुपया आसतलो. हस्तशिल्प स्टॉल खातीर अर्ज फॉर्माचो लाव घेवपा खातीर सक्षम प्राधिकरणान जारी केल्लें कारागीर कार्ड आनी फोटो वळख पुरावो (ईपीआयसी/वेंचणूक कार्ड) आनी पॅक केल्ल्या अन्न/सेवा दिवपी अन्न खातीर अर्ज फॉर्माचो लाव घेवपा खातीर फोटो वळख पुरावो (ईपीआयसी/वेंचणूक कार्ड) घेवन वचप सक्तीचें आसा.

**अंजू तिंबलो आनी सचिन लवंदे हांका प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार**

मडगांव : नामनेच्यो उद्देजिका अंजू तिंबलो आनी सचिन लवंदे हांकां काशीनाथ दामोदर नायक मेमोरियल प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार जाहीर केल्यातहे पुरस्कार गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स हे संस्थेवतीन दितात. पुरस्कार वितरण सुवाळो 27

डिसेंबराक सांजवेळा 5 वरांचेर मडगावच्या विद्या निकेतन  सभाघरांत जातलो अशी म्हायती सुवाळ्याचे निमंत्रक दत्ता दामोदर नायक हांणी दिल्या.

हवामान -

सद्या राज्यांत शियाचो कुडकुडो बरोच वाडला. सकाळचे धुकेय पडपाक लागला. गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले ६ दिस अशेंच वातावरण उरपाचो अदमास उक्तायला. पणजे चडानचड तापमान ३१.७ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान १७.१ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला.जाल्यार मुरगावा चडानचड तापमान ३०.६ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे १८.२डिग्री सेल्सियस इतले नोंद जाला.

स्पोर्टस -

गोंयचे जलतरण खेळगडे तन्मय साळोखे आनी ध्रुव टांक हांणी पाचव्या राश्ट्रीय फिंस्विमिंग सर्तीत भांगरापदक मेळयले. अंडरवॉटर स्पोर्ट्स फेडरेशन ऑफ इंडिया हांचे वरवी ही सर्त कर्नाटकातल्या मंगळूरुत सुरु आसा. सिनियर चल्यांच्या अ गटात तन्मय हांणे दोन भांगरा पदका मेळयली. ताका २०० बी आय फिन्स आनी ८०० बी आय फिन्स सर्तीत पयली सुवात मेळ्ळी. जाल्यार ज्युनियर चल्यांच्या गटात ध्रुवाक२०० बी आय फिन्स सर्तीत भांगरा पदक मेळ्ळे.